गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

<u>सरकारी पत्रक</u>

**<u>रोजगार विनीमय केंद्रांतल्या ऑनलायन नोंदणी प्रक्रियेविशीं खुलासो</u>**

ता. 25 सप्टेंबर 2019

रोजगार विनीमय केंद्रांतल्या ऑनलायन नोंदणी प्रक्रियेविशीं थळाव्या वृत्तपत्रांनी छापून आयिल्ल्या बातमी संदर्भात कामगार आनी रोजगार खात्यान स्पश्टीकरण दिला. गोंयांत बेरोजगारांच्या नोंदणी खातीर उत्तर गोंयांत पणजी आनी दक्षीण गोंयांत मडगांव हांगा रोजगार विनीमय केंद्र आसा. तशेंच रोजगार कायद्याची अंमलबजावणी, भौशीक आनी खाजगी क्षेत्रांतल्या रोजगाराची म्हायती एकटाय करप, नोंद आशिल्ल्या डाटातल्यान पात्र उमेदवारांची नांवा पुरस्कृत करपाची प्रक्रिया कामगार आनी रोजगार खात्यातल्यान जाता.

अनेक वर्सां सावन रोजगार विनीमय केंद्रांतली प्रक्रिया हातांनी जाताली. बेरोजगारांक मुळ दाखल्यां सयत रोजगार विनीमय केंद्रात वचून नवीन नोंदणी करप, नुतनीकरण करप, नवीन दाखले जोडप अशी प्रक्रिया पुर्ण करपाक खुप वेळ वगडावचो पडटालो. तशेंच रोजगार विनीमय केंद्रांच्या कर्मचाऱ्यांकय नोंदणी डाटा हाताळपाक आनी सोदपाक कठीण जाताले. शैक्षणिक पात्रताये प्रमाण उमेदवारांची वर्गवारी करपाक अडचण येताली. रोजगार विनीमय केंद्रांतल्या सगळ्यां कर्मचाऱ्यांक नोंदणीचे काम करचे पडटाले आनी कॅरीयर मार्गदर्शन, वेवसायीक मार्गदर्शन अशी म्हत्वाची कामा करप शक्य जायनासले.

सरकारान रोजगार विनीमय केंद्रांतली नोंदणी प्रक्रिया आनी हेर कामांच्या प्रक्रियेची गती आनी कार्यक्षमता वाडोवपा खातीर रोजगार विनीमय केंद्रांतली सेवा ऑनलायन करपाचो निर्णय घेतलो. बेरोजगारांक रोजगार विनीमय केंद्रात नोंदणी खातीर परत परत फावटी घालपाक पडचे न्हय म्हुण ऑनलायन नोंदणी करपाचे पयले पावल उखल्ले. आनी म्हत्वाचे म्हणल्यार 1,25,000 नोंदणी मदल्या अनेक जाणांची पिराय चड जाल्ल्याचे, अनेक जाण खाजगी क्षेत्रांत नोकरी करीत आशिल्ल्याचे, दोन फावट नोंदणी केल्ल्याचे नदरेक आयले. तशेंच हातांनी बरयिल्ल्या डाटावरवीं खाजगी क्षेत्रांत आदीच नोकरी करप्यांची वळख पटोवप अशक्य जाताले. बेरोजगारांची वर्गवारी प्रमाण अचूक आंकड्यांची नोंद दवरप हो ऑनलायन सेवेचो मुखेल उद्देश आसा, जे पयली शक्य नाशिल्ले. फेब्रुवारी 2019 सावन ऑनलायन सेवा सुरू जाल्या आनी हातांनी नोंदणी केल्ल्या बेरोजगारांनी www.goaonline.gov.in चेर भेट दिवन सविस्तर म्हायती भरप आनी दाखलें अपलोड करपाची गरज आसा. आतामेरेन 49,461 उमेदवारांनी ऑनलायन नोंदणी केल्या आनी तातूंतल्या 39,374 अर्जदारांक कार्डा जारी केल्यात. अर्जदारांच्या सकारात्मक प्रतिक्रियेखातीर 10087 अर्ज अनिर्णीत दवरल्यात.

केंद्र सरकारच्या मॉडेल कॅरियर सेंटर येवजणेखाला पणजेच्या विभागीय रोजगार विनीमय केंद्रात आता पुराय तरेन बदल करपाचे काम चालू आसून कॅरियर मार्गदर्शन, योग्यताय प्रशिक्षण, कॅरियर चर्चासत्र, बेरोजगारांचे पात्रतेप्रमाण वर्गीकरण आनी हेर कार्यक्रम सुरू जातले. तशेंच एमसीसी वतीन नोकरीच्या सोदात आशिल्ल्यांक आनी मनुश्यबळाची गरज आशिल्ल्या उद्देगांच्या मालकांक ऑनलायन पोर्टल सेवा दितले. रोजगार दिवपी मालक आनी रोजगाराची गरज आशिल्ल्या बेरोजगारांमदले अंतर भरून काडपा खातीर सरकारचे येत्न आसा, अशें खुलाशात म्हणला.

म्हा /सप/ एमएस/ जाॅआ/ विगां/ 2019/624

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA